# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# ज्ञानी राजा सोलोमन


बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



राजा दावीद देवाचो एक व्हड मनीस आशिल्लो. ताच्या राजवटींत इज्रायल राजा सावलाच्या राज्या परस धा पटींनी व्हड जाल्ले. पूण आतां ताका आनीक राज्य करपाक मेळळें ना. दावीद जाण्टो आशिल्लो. आनी थकलो! आनी दुयेंत! पृथ्वीचेर ताचें जिवीत सोंमपाक लागलें.





दावीदाच्या जायत्या पुतां मदलो एक अदोनिया हाणें इज्रायल लोकांक सांगलें की तो आतां राजा जातलो. ताच्या नांवाचो अर्थ “म्हजो प्रभु देव”, तरी अदोनिया बरो मनीस नाशिल्लो. दावीद ताका प्रतिकार करपाक सामको दुबळो आशिल्लो हें जाणून ताणें सिंहासन चोरपाचो यतन केलो. पूण देवा कडेन हेर येवजण्यो आशिल्ल्यो!

3



दावीदाची बायल बतशेबाक आपलो पूत सोलोमन राजा जावंक जाय हें कळ्ळें. तिणें दावीदाक आदोनियाच्या येवजण्यां विशीं सांगलें. दुयेंत आसलो तरी दावीदान आपल्या फुडाऱ्यांक एकठांय करून सोलोमनाक जाहीरपणान इज्रायलाचो राजा केलो.

4

इज्रायल लोकांनी दावीदाचेर विस्वास दवरलो म्हणून सोलोमनाक अदोनिया कडेन आनीक त्रास जालो ना. दावीदान तांकां सांगलें की सोलोमन होच देवान तांचो राजा जावंक वेंचून काडला. थोड्याच काळा उपरांत दावीडाक मरण आयलें.



5



दावीद मरचे आदीं ताणें सोलोमोना कडेन देवाचें आदन्या पालन आनी बरो राजा जावपा विशीं उलयलें. “तुमी करतात त्या सगळ्या गजालींनी तुका फुडार मेळचो म्हणून देवाच्या मार्गांनी चल” दावीदान आपल्या पुताक सांगलें. तो बरो सल्लो आशिल्लो! उपरांत सोलोमन आपल्या बापाय दावीदाच्या सिंहासनाचेर बसलो आनी ताचें राज्य घट जालें.

6

एके राती सोलोमनाक एक सपन पडलें. ताच्या सपनांत देव ताका दिसलो आनी म्हणपाक लागलो, “माग! हांव तुका कितेंय दितलों?” कितें मागपाचें?



7

सोलोमनान बरो राजा जावंक बुद्धी मागली. तरणाट्या राजाची विनंती पळयन देवाक खोशी जाली. सोलोमनान मागल्लें मेळ्ळें – पूण देवान ताका व्हड गिरेस्तकाय आनी मानाचीय उतरां दिली.



8


सोलोमनाची बुद्धी लोकांक सोदून काडपाक चड वेळ लागलो ना. एक दीस ताचे मुखार दोन आवय आयल्यो, एक बाळक घेवन. “ह्या बायलेचो पूत रातच्या वेळार मेलो, आनी तिणें आपलें मेल्लें भुरग्याक म्हज्या जिव्या भुरग्याक बदललें” अशें एके बायलेन सांगलें. “ना! पूण जिवो म्हजो पूत, आनी मेल्लो तुजो पूत” दुसरे बायलेन म्हणलें. खरी आवय खंयची तें राजा कशें कळटलें?
9
तेन्ना राजान म्हणलें, तलवार हाड. देखून तांणी राजामुखार एक तलवार हाडली. राजा तलवारीन कितें करपाचो विचार करतालो अशें तुमकां दिसता?
10
राजान म्हणलें, “जिव्या भुरग्याक दोन भाग करून एकाक अर्द आनी दुसऱ्याक अर्द दिवचें.” मागीर जिव्या भुरग्याची आवय म्हणपाक लागली, “हे माझ्या स्वामी, तिका जिवें भुरगें दि आनी ताका मारचो न्हय.”
11
पूण दुसऱ्यान म्हणलें, “तो म्हजो वा तुजो न्हय, पूण ताका वांटून दिवचो.”
12
राजान म्हणलें, “पयले बायलेक जिवें भुरगें दि. ती आवय.” सगळ्या इज्रायलान ह्या न्यायाची खबर आयकली आनी तांणी राजाक खूब मान दिलो. देवाची बुद्धी तातूंत आसा हें तांकां दिसलें.
13
इज्रायल लोकांक देवाची पुजा करपाक देवूळ नाशिल्लें. दावीदान एक बांदपाची येवजण आंखली तेन्ना देवान सांगिल्लें, “तुजो पूत म्हज्या नांवा खातीर घर बांदतलो.” देखून सोलोमनान जेरुसलेमांत एक अद्भुत देवूळ
बांदपाक सुरवात केली.
14


हें देवूळ बांदपाक सात लांब
वर्सां लागलीं. सोलोमनान
देवूळ सर्वेस्पराक अर्पण
करपाक व्हडलो दीस
आयलो तेन्ना आयकुपाक
सगळे जमले.
15


एक अद्‌भुत प्रार्थने उपरांत
राजा आनी लोकांनी खोशीन
हजारांनी बळी दिली आनी
दोन सप्तकां व्हड मेजवानी
केली!
16


हाचे उपरांत देव सोलोमनाक
परतून प्रगट जालो आनी जो
मेरेन ते सर्वेस्पराचें आदन्या
पालन करतले तो मेरेन ताका
आनी इज्रायलाक आशीर्वाद दितलों
अशें उतर दिलें.
17


दुख्खाची गजाल म्हळयार सोलोमन वा इज्रायल
लोकांनी सदांच देवाचें आदन्या पाळळें ना. देवान
लगन जावंक नाका अशें सांगिल्ल्या जायत्या
बायलांकडेन राजान लगन केलें. ताच्या विधर्मी
बायलांन ताचें काळीज मूर्तीं फाटल्यान
घुंवडायलें; आनी ताचें काळीज ताच्या
बापाय दावीदा सारकें देवा
कडेन निश्ठावान
नाशिल्लें.
18


सोलोमनान देवाचें आदन्या पाळपाची संद वाया घाली, ताच्या
जेरोबाम नांवाच्या एका अधिकाऱ्याक एक विचित्र अणभव
आयलो. एक संदेष्ट्यान ताका सांगलें की देव सोलोमनाचें
राज्य वांटून दितलो आनी बारा जमातींतल्या धा वंशांचेर
जेरोबाम राज्य करतलो. जेरोबाम
रोखडोच इजिप्तांत पळून गेलो.
रावलो जाल्यार ताका सोलोमन
मारतलो हें
ताका खबर
आशिल्लें.
19


निमाणें
सोलोमनाक
मरण आयलें.
ताचो पूत रेहोबामान लोकांचेर
सोलोमनान केल्ल्या परसय
वायट कर घालो. धा जमातींनी
बंड केलें – आनी जेरोबामाक
आपलो मुखेली म्हूण वेंचून
काडलो. देवाच्या संदेष्ट्यान
सांगिल्ले प्रमाण सोलोमनाचें
व्हडलें राज्य दोन वांटे
जालें. ताची आदन्या
मोडपी लोकांक देव
आशीर्वाद दिवंक शकना!
20

ज्ञानी राजा सोलोमन

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

१ राजा १-१२

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130






22 60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे
आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक
मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक
धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर
देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो
आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता
तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या
जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16